प्रादेशिक खबरो

29.12.2025 @ 7.20 PM

- राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नवीन हांची वाटचाल आनी अणुभव हो पक्ष आनी देश घटमुट करपाक पूरक थारतलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला
- नव्या वर्साच्या पयलेच अधिवेशनात लेगीत राज्याचे प्रस्न मांडपा खातीर फाटले खेपे प्रमाण युनायटेड अपोजीशन आसतलें.
- दक्षिण गोंय जिल्हा पंचायत मंडळाचे अध्यक्ष आणि उपाध्यक्ष वेचून काडपाखातीर फाल्या मंगळारा वेचणूक जावपाची आसा.
- गोवा क्रिकेट असोसीएशनाच्या बार्देझ विभागिय ब गट क्रिकेट सर्तीत ग्लोबल स्पोर्ट्स क्लुबान पोलीटिक्स इलेव्हानाक चार गडे राखून हारायले.

राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नवीन हांची वाटचाल आनी अणुभव हो पक्ष आनी देश घटमुट करपाक पूरक थारतलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. नवी दिल्लीत राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नवीन हांची भेट घेतल्या उपरांत तांणी सांगले. भारतीय जनता पक्षाचे राष्ट्रीय कार्यकारी अध्यक्ष नितीन नवीन हे बेगीनूच संघटणात्मक कार्याचो नियाळ घेवपा खातीर गोंयांक भेट दिवपाचे आसा. नवे अध्यक्ष सगळया राज्यांची भोवंडी करपाचे आसा. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी नवी दिल्लीत भाजपाचे राष्ट्रीय कार्यकारी अध्यक्ष नितीन नवीन हांची भेट घेवन तांका परबी भेटयली. नितीन नवीन हे कार्यकारी अध्यक्ष जाले उपरांत मुखेलमंत्र्यांनी पयलेच खेप तांची भेट घेतल्या. हे वेळार आदले आमदार सिद्धार्थ कुंकळयेकार, आदले खासदार ॲड. नरेंद्र सावयकार आनी सर्वानंद भगत उपस्थित आशिल्ले.

नव्या वर्साच्या पयलेच अधिवेशनात लेगीत राज्याचे प्रस्न मांडपा खातीर फाटले खेपे प्रमाण युनायटेड अपोजीशन आसतलें. विरोधी पक्षांच्या आमदारांची बसका 3 जानेवारीक जातली. काँग्रेस विधीमंडळ गटाच्या बसकेत जिल्हो पंचायत निकाला सयत अधिवेशनाचेर चर्चा जाली, अशी म्हायती काँग्रेस विधीमंडळ फुडारी युरी आलेमाव हांणी दिली.विधानसभेचे अधिवेशन 12 जानेवारी ते 16 जानेवारी मजगती जातलें. हे फांटभुयेर काँग्रेस विधीमंडळ गटाची बसका जाली. राज्याचे प्रस्न तशेच जिल्हो पंचायत निकालाचेर चर्चा जाली. हे खेपो लेगीत सरकाराक धारेर धरपा खातीर विधानसभेत सगळया विरोधी आमदारांक एकठांय हाडपाचे येत्न आसा, अशें काँग्रेस विधीमंडळ फुडारी युरी आलेमाव हांणी सांगलें.

कोंकणी तियात्राचे जनक म्हणून जांकां वळख अशील्ले  लुकासीन रिबेरो हांची जयंती २ जानेवारीक मनयतले. ह्या निमतान नेवीस ओलिव्हेरा, आंतोनियो कुर्रेय आनी आल्फ्रेड फर्नांडिस ह्या तीन म्हालगड्या तियात्रिस्तांचो जिणे गौरव पुरस्कार दिवन भोवमान जातलो. गोवा तियात्र अकादेमीन आयोजीत केल्ली ही कार्यावळ आसगांव हांगाच्या युनियन हायस्कुलांत दनपारां 3 वरांचेर सुरू जातली. ह्या कार्यावळींत शिवोलीची  आमदार डिलायला लोबो मुखेल सोयरी आसतली . तोमाझीन कार्दोज आनी रिबेरो हांचे नातू युरी रिबेरो हे खासा आमंत्रित  सोयरे म्हूण आसतले.

दक्षिण गोय जिल्हा पंचायत मंडळाचे अध्यक्ष आणि उपाध्यक्ष वेचून काडपाखातीर फाल्या मंगळारा वेचणूक जावपाची आसा.ते खातीर आज उमेदवारी अर्ज भरले. अध्यक्षपदा खातीर भाजपचे सिद्धार्थ गावस देसाय आणि काँग्रेसच्यो लुईझा रॉड्रिग्ज हांणी अर्ज भरल्यात जाल्यार उपाध्यक्ष पदाखातीर भाजपच्यो अंजली वेळीप आणि गोवा फॉरवर्डच्यो इनासीना पिंटो हाणी अर्ज भरल्यात.ह्यावेळार वेचणूक अधिकारी म्हणून पालवी पंचायत संचालक मानुयेल बारेटो आणिजिल्हा पंचायत मुख्याधिकारी विकास कांबळे हे हाजीर आसले.

२९ डिसेंबर पासून सरकारी मुद्रण आणि स्टेशनरी संचालनालयान छापलेली सरकारी उपयुक्त दिनदर्शिका २०२६ पणजी आणि मडगांव  हांगा  संचालनालयाच्या विक्री काऊंटराचेर सकाळी ९.३० ते दुपारी १.०० मरेन  आणि दन्पारा  २.०० ते सांजे  ५.०० मरेन  विक्रीक उपलब्ध आसतली  . उपयुक्त दिनदर्शिकेचो  दर ६० रूपये आसा तातून  १८ टक्के जीएसटी आसा . स्टॉक सोप मेरेन कार्यालयीन वेळेत विक्री चालू उरतली

पर्वरी उड्डाण पुलाच्या कामा खातीर 2 जानेवारी ते 2 मार्च 2026 ओडीपी रस्तो ते दामियान दी गोवा तशेंच कदंब हॉटेल ते ओ कोकेरो जंक्शना मेरेनचो रस्तो येरादारी खातीर बंद आसतलो. ह्या वेळार पर्यायी मार्गान येरादारी वळयतले. उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकीत यादव हांणी आदेश जारी केलो.

गिरवडे वटेन नवो ओडीपी रस्तो ते दामियान दी गोवा आनी पर्वरी वटेन कदंब हॉटेल ते ओ कोकेरो मेरेन ह्या म्हामार्गाचे दोन भाग बंद दवरतले जाल्यार उरिल्ले भागांत येरादारी चालू आसतली.

म्हामार्गाच्या कामा खातीर येरादारी बंद दवरल्यार कितें परिणाम जातलो हाचो नियाळ घेवपा खातीर एक दिस येरादारी बंद दवरपाचो निर्णय घेतला.

ह्या काळांत जी जड वाहनां गरजेच्या वस्तुंची येरादारी करतात तांकां खर चडटेक लागून म्हापशें वटनेच्या ओडीपी रस्त्याचेर वचपाक शक्य जावचे ना. देखून सद्याच्या रस्त्याचेर एक लेन उक्ती दवरुन तांकां म्हापशें ते पणजी प्रवास करपाक मेकळीक दिल्या.

भारताच्या निवडणूक आयोगान गोया खातीर १ जानेवारी, २०२६ ही पात्रता तारीख निश्चित करून मतदार वळेरीच्या विशेष सखोल पुनरीक्षण (SIR) ची घोषणा केली. भारताच्या वेचणूक आयोगान जारी केल्या कार्यक्रमा प्रमाण , दावे आणि आक्षेप दाखल करपाचो पावडो आणि मतदार नोंदणी अधिकाऱ्या वरवी सूचना जारी करप , सुनावणी, पडताळणी, गणना अर्जांर निर्णय घेवप आणि दावे आणि आक्षेपांची एकाच वेलार विल्हेवाट लावपा संबंधीचो सूचना पावडो सुरू जाला. दावे आणि आक्षेप दाखल करपाचो कालावधी १६ डिसेंबर, २०२५ ते १५ जानेवारी, २०२६ पर्यंत आसा . मतदार व्लेरीचे अंतिम प्रकाशन १४ फेब्रुवारी, २०२६ क जातले

आज दनपारच्या व्यवहारात बेंचमार्क देशांतर्गत इक्विटी निर्देशांक, सेन्सेक्स आणि निफ्टी सुमार ०.३ टक्क्यांनी घसरले.

विकसित भारत - रोजगार आणि अजीविका मिशन (ग्रामीण) कायद्या खातीर फाटल्या सात वर्षांच्या सरासरी वाटपाच्या तुलनेत बहुतेक राज्यांक १७ हजार कोटी रुपयांचो निव्वळ फायदो जावपाची शक्यता आसा. या कायद्यान वीस वर्सा पोरण्या महात्मा गांधी राष्ट्रीय ग्रामीण रोजगार हमी कायदो २००५ ची सुवात घेतल्या. स्टेट बँक ऑफ इंडियाच्या संशोधन अहवाला .प्रमाण या कायद्याक लागुन राज्यांक एकूण निधी वितरणात सुधारणा जातली. अहवालात अशे अधोरेखित केला की विकसित भारत जी- राम जी फ्रेमवर्का वरवी आदीच्या मनरेगाची पुनर्रचना परिवर्तनकारी पद्धती आणि धोरणां एकत्रित करपाचो प्रयत्न करता. स्पर्धात्मक प्रकल्प वळख, उत्पादक मालमत्ता निर्मिती, वाढीव उत्पन्न निर्मिती आणि कार्यक्षम देखरेख यंत्रणेकडे संबंधित आव्हानांक तोंड दिवपाचेर लक्ष केंद्रित करतले.एसबीआयचे मुख्य आर्थिक सल्लागार डॉ. सौम्य कांती घोष हाणी बरयल्या या अहवालात असे नमूद केला की विकसित भारत - जी राम जी कायद्याचो उद्देश सगळया स्तरां चेर रोजगार निर्मिती, पारदर्शकता, नियोजन आणि जबाबदारी मजबूत करताना संरचनात्मक कमकुवतपणा पयस करप आसा

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी राज्यांक उत्पादनांक प्रोत्साहन दिवपाचे, व्यवसाय सुलभतेक चालना दिवपाचे आणि भारताक जागतिक सेवा क्षेत्रातलो दिग्गज करपाचे आवाहन केला. भारत रोखडोच राष्ट्रीय उत्पादन अभियान (एनएमएम) सुरू करतलो आणि प्रत्येक राज्यान ताका सर्वोच्च प्राधान्य दिवुंक जाय, जागतिक कंपन्यांक आकर्षित करपाक मुळाव्यो सुविधा निर्माण करूंक जाय अशे ताणी म्हणला

आकाशवाणीचेर केल्ल्या मन की बात कार्यावळींत उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी स्वदेशी उत्पादना लोक आता खरेदी करतात आणि तांचे मदी हे विशी उमेद आसा अशे सांगले

मन कि बात हो अशा लोकाक मुखार हाडपाचो एक यत्न आसा जे फक्त पारंपारिक कलाक मुखार व्हरपि न्हय तर थळाव्या लोकाचे सक्षमी करणय करता

ऑल इंडिया इन्स्टिट्यूट ऑफ मेडिकल सायन्सेसान वैजकीय स्थिती - लिंग विकासातल्या जन्मजात फरक (DSD) बद्दल अधिक जनजागृतीचे आवाहन केला आनी पालकांक भीयेव नका अशे आवाहन केला. DSD हो जीन्स, हार्मोन्स आणि पुनर उत्पादक अवयवांचो समावेश आशिल्या दुर्मिळ दुयेसाचो समूह आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्याव्ली प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांनी ANTIBIOTICS विशी सागील्ले ताचोय संदर्भ ताणी दिलो byte

गोवा क्रिकेट असोसीएशनाच्या बार्देझ विभागिय ब गट क्रिकेट सर्तीत ग्लोबल स्पोर्ट्स क्लुबान पोलीटिक्स इलेव्हानाक चार गडे राखून हाराय्ले.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३३ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १९.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.